Panaji Regional 30th July 2025 7.25am

रश्मी 170

मडगांव पालिकेत १३ पदाखातीर फाटल्या ९ म्हयन्यापयली नोकरभरती परीक्षा जाल्ली. मात ह्या पदाचेंर आता भलत्यांकुच घेतल्यात, जाल्यार सुमार १५०० पदाखातंरी अर्ज केल्ले नागरीकांक नोकरी मेळूना तांचेर अन्याय जाला अशे आमदार विजय सरदेसाय हांणी शुन्य वराक सभाघराच्य नदरेक हाडुन दिले. तशेंच ही नोकरभरती सरकारान गोंय कर्मचारी भरती आयोगावरवी करची अशी मागणी केली. Byte विजय

मात मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी नगरपालिका भरती कर्मचारी भरती आयोगावरवी करपाक शकना अशी जाप दिली.

आमदार क्रुझ सिल्वा हांणी कुटबण जेटीचेंर नुस्तेमारी हंगाम सुरु जावचे पयली थंय नव्यान बांदिल्ली प्रसाधनघरा चालीक लावची अशी मागणी केल्या.

आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी बोरयेचो पुल सामको मोडुक आयला. ताचेर उबो रावल्यार लेगीत हो पुल हालता हे जणवता, सदच्या येरादारीखातीर ह्या पुलाचो उपेग लोक करतात, ताका लागुन हो प्रस्न जाता तितल्या बेगीन सुटावो करचो अशी मागणी केल्या.

Byte एलटन

गोंयातल्या वेगवेगळ्या उच्च् माध्यमिकांनी कंत्राटी पध्दतीचेर काम करपी सुमार १३० लायब्रेरीयनाक सध्या म्हयन्याक फकत १४ हजार पगार मेळटा. ह्या पगारात वाड जावप, तशेंच तांका कायम सेवेत घेवपाविंशी सराकरान निर्णय घेवचो अशी मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केला.

रश्मी 80

गोंय सरकार फुडल्या 15 दिसां भितरउत्तर आनी दक्षिण गोंयांतल्या आनीक चार खण ब्लॉक- -ई-लिलाव करपा खातीर चवथी नोटीस (एन.आय.टी) जारी करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोदसावंत दिली. राज्यांत शाश्वत खणकाम सुरू करपाची सरकाराची मोख आसा. मायनिंग ऑक्टोबर 2025 मेरेन सुरू जातले .आतां मेरेन

12 खण ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले तीन खण ब्लॉक सुरू जाल्यात, जाल्यार फुडल्या दोन म्हयन्यां भितर आनीक दोन खण ब्लॉक सुरू जावपाची शक्यताय आसा अशें आमदार एल्टन डीकोस्टा हांणी गोंयातलो मायनिंग वेवसाय केन्ना मेरेन सुरु जातलो  ह्या प्रस्नाक जाप दितना मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दिल्या.

गणेश 65

टॅक्सी ॲप ॲग्रीगेटराचो निर्णय मुखेलमंत्री सगळ्या आमदारांक विस्वासात घेवन घेतलो. सगळ्या आमदारांची बसका घेवन हे विशी निर्णय जातलो. गोंयाक संवसारीक पावंड्यावेले पर्यटन थळ करपा खातीर ॲप ॲग्रीगेटराची गरज आसा, अशें येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें. रेंट ए कॅबविशी ४ ऑगस्टा पयली मुखेलमंत्री बसका घेतले, अशें तांणी सांगलें. सगळ्या १९१ पंचायतीचे वेवहार आनी सेवा पावंड्या पावंड्यान ऑनलायन जातल्यो. अशें पंचायत मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी सांगलें.

रश्मी 40

पेडणेच्या मोपा वाठारात तिळारी प्रकल्पाच्य कामाखातीर आरक्षित केल्ली सुवात गोंय गुतवनुक मंडळावरवी डेल्टा कंपनीक  हॉस्पिटेलिटी ववसायाखातीर कित्याक दिलो.  शेता- भाटाक लागपी शिपणावलीच्या नदरेतल्यान  तिळारी प्रकल्पाखातीर आरक्षित कल्ली ही सुवात गरजेची आसा तो हेर बाबींक दिवची  न्ही अशे विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी म्हणला

रश्मी 30

गोंयांत बनावटी सोरो तयार जाता,आणि गोंयातल्यान हो सोरो हेर राज्यांनी वता,तशेंच गोंयात  लेगीत शेजारच्या राज्यातल्यान असो सोरो येता, ही बेकायेदशीरपणा सुरु आसतना गोंयच्या शीमेचेर आशिल्ले पुलिस तशेचं अबकारी अधिकारी कारवाय कित्याक करीनात असो प्रस्न आमदार वेन्झी विएगश हांणी केलो.

Weather – 30

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैऋत्य मॉन्सून दुबळे आशिल्लो. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

Sports 30

अकरावि रेन फोरेस्ट चेलेंज मोटर स्पोर्ट्स सर्त काल सावन सुरु जाल्या आणि ती 3 ओगस्ट मेरेन चलतली. गोयच्या सेड्रिक दा सिल्वा आणि बायरन डायस कडे पुराय गोय्काराची नदर आसा.